30th August 2026 8.40am

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा

मुखेल खबरो

**- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज ताश्कंतांत, उझबेकिस्तानाचे राष्ट्रपती शौकत मिर्झि-योयेव हांचे कडेन, द्विपक्षीय उलोवणी करतले.**

**- आयज सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणीचेर जावपी मन की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, देश आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडतले.**

**- नेपाळांत हुंवाराक लागून मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो, 675 जाला. सुमार 2 हजार 400 लोक अजुनूय बेपत्ता आसात.**

**- नेपाळांत हुवारात सापडिल्ल्या 108 भारतीय नागरिकांक सोडयल्यात, अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगलां. मजत आनी बचाव कार्य झुंजा पावड्यार सुरूच आसा.**

**- बायलांच्या क्रिकेटांत, टी-20 आशिया कप सर्तींत, भारत आयज दुबयत, थायलंडा आड खेळटलो.**

-----------------------------------------------------

PM Uzbekistan

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज ताश्कंतांत, उझबेकिस्तानाचे राष्ट्राध्यक्ष शौकत मिर्झि-योयेव हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले. वेपार आनी गुंतवणूक, संरक्षण, डिजिटल जोडणी, उर्जा, शिक्षण आनी लोकां मदीं सहकार्याचो दोनूय फुडारी नियाळ घेतले. प्रधानमंत्रीच्या यत्नांक लागून फाटल्या धा वर्सांत दोनूय देशांमदीं वेपारांत, 300 टक्क्यांनी वाड जाल्या. दोनूय देशांनी मेळून, फुडल्या काय वर्सांनी सध्याचो एक अब्ज डॉलर वेपार, दुपेटीन करपाचो हेत दवरला. हे संबंदी आयज, कांय म्हत्वाचो कबलाती जावंक शकतात. आमचो खबरांकार, प्रधानमंत्र्यांच्या हे भेटी विशी अधिक म्हायती दिता.

-----------------------------------------------------

Nepal Flood

नेपाळांत हुंवाराक लागून मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो, 675 जाला. सुमार 2 हजार 400 लोक बेपत्ता आसात, तातूंत उण्यांत उणे 320 विदेशी नागरिक आसात. 4 हजार 400 परस चड लोकांक सोडयल्यात, तातूंत संपर्क तुटील्ले 261 विदेशी पर्यटक आसात. नेपाळ पुलिसांनी आठ जिल्ह्यांतल्यान, 675 कुडी सोदल्यात. 15 हजारांवयर सुरक्षा कर्मचाऱ्यांक तैनात केल्यात जाल्यार, आडखून पडील्ल्या लोकांक सोडवपा खातीर आनी मदत पुरवण करपा खातीर, हेलिकॉप्टरांनी मोहीम सुरु आसा. मजगती, नेपाळांत हुवारात सापडिल्ल्या 108 भारतीय नागरिकांक आतां मेरेन सोडयल्यात, अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगलां. सोशल मिडियाचेर विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी, पयलीं संपर्क करपाक मेळनाशिल्ल्या सुमार 50 भारतीय नागरिकां कडेन, संपर्क परतून सुरु केला, अशे सांगले. 275 भारतीय नागरिक बेपत्ता जाल्ल्याची म्हायती मेळ्ळया आनी हेर राश्ट्रीयताय आशिल्ले भारतीय मूळचे सुमार, 128 लोक बेपत्ता जाल्यात, अशें मंत्रालयान सांगलां. भारत सरकारान नेपाळाक आपत्कालीन साहित्य आनी मजत धाडल्या.

-----------------------------------------------------

Man Ki Baat

आयज सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणीचेर जावपी मन की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देश आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 137वो भाग आसतलो. हि कार्यावळ पुराय आकाशवाणी आनी दूरदर्शन नेटवर्क, ए.आय.आर न्यूज संकेतथळ, न्यूज ऑन  एअर मोबायल अॅपाचेर प्रसारीत जातली. तशेंच ए.आय.आर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. आकाशवाणी, हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

-----------------------------------------------------

Vice President Keralam

उप राष्ट्रपती सी. पी राधाकृष्णन आयज दोन दिसांच्या अधिकृत भेटी खातीर, केरळमात पावतले. आलाप्पुळा हांगाच्या केरळम कौमुदी दिसाळ्याच्या महोत्सव उत्सवाक ते हाजीर रावतले  ताचे उपरांत, उपराष्ट्रपती पठान-मथिट्टा जिल्ह्यांतल्या

अरणमुळा बोटी सर्तींचें उक्तावण करतले. सांजे तिरुवनंतपुरमांत जावपी ओनम पर्यटन सप्तकाच्या उत्सवाच्या भव्य समारोप परेडीक उपराष्ट्रपती, पांचवो बावटो दाखय्तले.

------------------------------------------------------

तेलंगणा इसी

तेलंगणाचे मुख्यमंत्री रेवंत रेड्डी हांणी, मतदारांक हरकत आनी कागाळी दाखल करपाची मुजत वाडोवची असो उलो, भारतीय वेंचणूक आयोगाक मारला. मतदारांक वेंचणूक नोंदींच्या, चालू आशिल्ल्या खाशेल्या सघन सुदारणा वेळार, हरकत घेवपाची मुजत वाडोवची अशे सांगला. मुख्य वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांका बरयल्ल्या पत्रांत, मुख्यमंत्र्यानी तेलंगणात बेगीन वेंचणूक जावपाची ना आनी सुदारणा प्रक्रिया योग्य रितीन पुराय करपाक फावो तो वेळ दिवचो, अशें सांगलां. सध्याची 16 सप्टेंबराची मुजत चार सप्तकां वाडोवची, अशेंय तांणी मागलां.

------------------------------------------------------

Rajnath Singh

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज लखनौत जाल्ल्या उद्देगीक परिशदेंत, मार्गदर्शन करतले. पीएम सेतु येवजणे खाला ही परिशद घडोवन हाडटा, जंय कुशळटाय उदरगत, उद्देजकता, वेवसायीक शिक्षण हांचे संबंदीत विशयांचेर चर्चा जातली. ह्या परिशदेक हाजीर रावचे पयलीं मंत्री  सिंग, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची मन की बात कार्यावळ आयकतले. तशेंच मुख्यमंत्री योगीआदित्यनाथ हांच्या हाजिरेंत लखनौ छावणी वाठारांत, 101 कोटी रुपयांच्या 12 उदरगत प्रकल्पांचे बुन्याद घालतले. काल आपल्या भेटीच्या दुसऱ्या दिसा, संरक्षण मंत्र्यान, लखनौंतल्या सुगंध उद्यानाचें उक्तावण करून पार्क आनी भौशीक सुवाती लोकांक एकठांय हाडटात, अशें सांगलें. चडांत चड व्यस्त जिणे पद्दतींत अशो सुवाती ,समाजीक बंधनां घटमूट करपाक मदत करतात. ह्या कार्यावळी वेळार तांणी लाला लाजपत राय आनी शहीद भगत सिंग हांच्या पुतळ्यांचे अनावरण केलो आनी तशेंच वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांची बुन्याद घाली. तशेंच बाबासाहेब भीमराव आंबेडकर विद्यापिठाच्या, इकराव्या दीक्षांत सुवाळ्याक तांणी उलोवप केलें आनी गोमटी नगर वाठारांतल्या, ज्येश्ठ नागरिकांच्या घराचें उक्तावण केलें.

------------------------------------------------------

Mohan Bhagwat

मुसलमानांक भारतांत सुवात आसूंक फावना, अशें मानपी हिंदू, असल्या विचारांनी, हिंदू थारना, अशे मत राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाचे मुखेली मोहन भागवत हांणी उक्तायलां. हिंदुत्व दर एका मनशाचो स्वाभिमान वळखता, अशेंय तांणी मुखार म्हळें. न्यूयॉर्कांत जाल्ल्या "एक संवसार, एक मनीसपण", फुडाऱ्यांच्या परिशदेंत ते उलयतले. हिंदू अस्मिताये खातीर धर्मीक विविधतायेची मान्यताय आनी दरेक व्यक्तीची समान मोलाची गरज आसा, अशेंय तांणी मुखार सांगलें.

-----------------------------------------------------

मंडवीया Sunday on Cycle

केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री डॉ मनसुख मांडवीय हांणी नवी दिल्लींत जाल्ल्या, फिट इंडिया संडेज ऑन सायकलाचे कार्यावळीत वांटो घेतलो. ही कार्यावळ ब्रिक्साच्या सहकार्यान, जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत आयोजीत केल्ली. प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना डॉ मांडविया हांणी सांगलें, कि सायकल चलोवप नागरिकां मदीं लोकप्रिय जालां. सायकल चलोवपाचें म्हत्व उक्तायतना ताणी सांगलें, कि हो व्यायामाचो एक उत्कृश्ट प्रकार, प्रदुशण मुक्त वातावरण, आनी येरादारीच्या गर्दीचेर प्रभावी उपाय आसा.

-----------------------------------------------------

Cricket Women

बायलांच्या क्रिकेटांत, भारत आयज दुबय आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमाचेर थायलंड आड खेळटलो आणि आपली टी-20 आशिया कप मोहिम सुरु करतलो. भारतीय वेळा प्रमाण आयज सांजे 8:30 वरांचेर ही मॅच सुरू जातली. थायलंडन चिनाचेर जैत जोडून खेळाची सुरवात केल्या.

-----------------------------------------------------

IMD

भारतीय हवामान खात्यान आयज ओडिशातल्या काय सुवातींनी, उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, रेड अलर्ट जरी केला. हवामान खात्याच्या म्हणण्याप्रमाण आयज अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, छत्तीसगड आनी अस्तंत बंगालातल्या काय

सुवातींनी घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच बिहार, उत्तराखंड, मध्य प्रदेश, उदेंत उत्तर प्रदेश, झारखंड, नागालँड, मणिपूर, मिजोरम, त्रिपुरा, उप हिमालय अस्तंत बंगाल, सिक्किम, आनी विदर्भात घोग्यांनी पावस पडटलो, असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

-----------------------------------------------------

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

**- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज ताश्कंतांत, उझबेकिस्तानाचे राष्ट्रपती शौकत मिर्झि-योयेव हांचे कडेन, द्विपक्षीय उलोवणी करतले.**

**- आयज सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणीचेर जावपी मन की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, देश आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडतले.**

**- नेपाळांत हुंवाराक लागून मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो, 675 जाला. सुमार 2 हजार 400 लोक अजुनूय बेपत्ता आसात.**

**- नेपाळांत हुवारात सापडिल्ल्या 108 भारतीय नागरिकांक सोडयल्यात, अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगलां. मजत आनी बचाव कार्य झुंजा पावड्यार सुरूच आसा.**

**- बायलांच्या क्रिकेटांत, टी-20 आशिया कप सर्तींत, भारत आयज दुबयत, थायलंडा आड खेळटलो.**

-----------------------------------------------------